**अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान संवसारीक अन्न सुरक्षा दीस मनयलो**

ता. 17 जून 2022

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान आयज संवसारीक अन्न सुरक्षा दीस मनयलो. संचालनालयान पणजे शारांत आयोजीत कार्यक्रमाचे उक्तावण भलायकी सचीव श्री. वाय. व्ही. व्ही.जे. राजशेखर हांचे हस्तुकीं जालें. "सुरक्षीत अन्न, बरी भलायकी" अशी संवसारीक अन्न सुरक्षा दिसाची संकल्पना आशिल्ली.

सुरक्षीत आनी पुश्टीक अन्न खावपाच्या म्हत्वाविशीं जागृताय करपा खातीर प्रत्येक वर्सा अन्न सुरक्षा दीस मनयतात.

ह्या वेळार उलयताना भलायकी सचीव श्री. राजशेखर हांणी आमी जे अन्न खातात ते आमच्या मेजामेरेन पावमेरेन सुरक्षीत आनी पुश्टीक आसतले, हाची प्रत्येकान खात्री करपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगून जे तरेन गोंयचो सैम पर्यटकांक भूरळ घालता तशीच गोंयची अन्न संस्कृतीय पर्यटकांची खाणाजेवणांची आवड पुर्ण करता, अशें सांगलें. खाणावळींनी नितळसाण राखपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्यो संचालक श्रीमती ज्योती सरदेसाय हांणी संचालनालयाच्या कार्याची म्हायती दितना अन्न सुरक्षेच्या बाबतीत ल्हान राज्यांमदी गोंयांक सेगीत चौथे फावट पुरस्कार फावो जाल्ल्याचे सांगलें. तशेंच पणजी शार आनी उत्तर गोंय जिल्ह्याक स्मार्ट सीटी आनी Eat Right District वर्गात पुरस्कार फावो जाला, अशें सांगलें.

कार्यक्रमाच्या उक्तावण सुवाळ्या उपरांत इयत्ता 8वी ते 10वी च्या विद्यार्थ्यांखातीर "Eat Right Goa" ह्या विशयाचेर डुडल चित्रकला सर्त जाली.

पणजी म्हापालिकेचे आयुक्त आग्नेलो फर्नांडिस हांचेय ह्या वेळार उलवप जालें.

कार्यक्रमाक बायला आनी भुरगीं उदरगत खात्याच्यो संचालक श्रीमती दिपाली नाईक आनी अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/425

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji